**केंद्रीय मंत्री नड्डा हांका आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्ट 2025 चे निमंत्रण**

ता. 23 सप्टेंबर 2025

समाज कल्याण आनी दिव्यांग व्यक्ती सशक्तिकरण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयोगाचे सचीव ताहा हाजिक हांच्या सयत नवी दिल्लीत केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री श्री. जे. पी. नड्डा हांची भेट घेवन तांका गोंयांत इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हलाक येवपाचे आमंत्रण दिले.

इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हल- गोंय 2025 ची तयारी नेटान चालू आसून 9 ते 12 ऑक्टोबर 2025 मेरेन फेस्टिव्हल जातलो. "Universal Design – Inclusive Thinking in Action" अशी ह्या वर्साच्या इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हलाची संकल्पना आसा.

केंद्रीय मंत्र्याक गोंयांत जाल्ल्या फाटल्या दोन वर्सांच्या इंटरनॅशनल पर्पल फेस्टिव्हलांची म्हायती करून दितना श्री. फळदेसाय हांणी ह्या उत्सवानिमतान आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रम बरे तरेन यशस्वी जावन दिव्यांग व्यक्तिंच्या सशक्तिकरणा खातीर मजत जाल्ल्याचे सांगलें. दिव्यांग व्यक्तिंच्या कल्याणा खातीर अनेक येवजण्यो आनी उपक्रम चालीक लावपाक धोरण थारावप शक्य जाला, अशें तांणी सांगलें.

गोंय सरकारान दिव्यांग व्यक्तिंचे कल्याण आनी सशक्तिकरणा खातीर सुरू केल्ल्या वावराची तोखणाय करून श्री. नड्डा हांणी पर्पल फेस्टिव्हलाक उपस्थित रावपाची इत्सा उक्तायली. तशेंच तांणी दिव्यांग व्यक्तिंच्या कल्याणकारी वावराक केंद्र सरकारा कडल्यान पुराय सहकार्य करपाचे उतर दिलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/774

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.